**<u>तेनझिंग नॉरगे राष्ट्रीय साहस पुरस्कारां खातीर नामांकनां मागयल्यांत</u>**

ता. 27 मे 2022

भारत सरकाराच्या युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्रालयान 2021 वर्साच्या तेनझिंग नॉरगे राष्ट्रीय साहस पुरस्कारां खातीर नामांकनां मागयल्यांत. हो पुरस्कार साहस क्षेत्रातल्या कामगिरीखातीर दितात. भुंय, दर्या आनी हवेतल्या साहसी कामगिरीखातीर प्रत्येकी एक पुरस्कार दितात. तशेंच एक आजीवन पुरस्कार दिवपा खातीरय तजवीज केल्ली आसा.

ह्या पुरस्कार येवजणेचे नेम आनी विहित नमुन्यातले अर्ज खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयाच्या व्हेबसायटीचेर उपलब्ध आसा. 2019, 2020 आनी 2021 ह्या तीन वर्सांत भुंय, दर्या आनी हवेतल्या साहसी प्रकारांत उत्कृश्ट कामगिरी केल्ल्या इत्सुक उमेदवारांनी खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालय, कांपाल पणजी गोंय हांच्या शिफारसी उपरांत आपले अर्ज ता. 16 जून 2022 मेरेन https://awards.gov.in ह्या पोर्टलाचेर अपलोड करचे. अर्ज आनी नेम खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयाच्या www.dsya.goa.gov.in. ह्या व्हेबसायटीचेर उपलब्ध आसा.

चड म्हायती खातीर श्रीमती मनुजा सावईकर, एपीईओ हांचेकडेन मो. नं. 9923907149 संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/367

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji